प्रादेशिक खबरो
29.05.2025 @ 7.25 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दीता.

रश्मि 60

आज राश्टीय पावंड्याचेर विकास कृशी संकल्प येवजण चालीक लागता. दील्लीत कैंद्रीय शेतकी मंत्री शीवराज सिंह चव्हाण ह्या येवजणेक launch करतले. जाल्यार गोयात उत्तर गोंयात आमोणा जाल्यार दक्षीण गोंयात लेगीत ही येवजण सरकार आज launch करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या,12 जुन मेरेन ही कार्यावळ चलतली.जाल्यार icar चे तज्ञ scientist शेतकारांक बीयाणे,पिकावळ हे वीशी मार्गदर्शन करतले.गोयांत शेतकी मळाक उर्बा दीवपाक ही येवजण महत्वाची थारतली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा byte

महेश 70

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालय येत्या काय दिसांनी योग दिसाये फांटभुयेर मोहीमो राबयतले. हातुंतयोग उपक्रमां खातीर माहितीपट आणि टॉक शो आसतलो. १ मे ते १५ मे मेरेन आकाशवाणीच्या खबरा पत्र विभागा वरवी योग कार्यक्रमां विशीचो पडदो उघडपी कार्यावळ सादर जातली.हातुंत १. आंतरराष्ट्रीय योग दिन/योग संगम/योग बंधन/योग पार्क/योग सामवेश/योग कनेक्ट, मिशन लाईफ/योग महाकुंभ बद्दल च्यो कथा २. कृषी संकल्प अभियाना खातीर कृषी मंत्रालयाचे तशेच आयुष मंत्रालय आनी योग समुदायाच्या कथांचो आसपाव आसतलो

रश्मि 80

30 मेक गोंय 39 वो घटक राज्य दीस मनयता. हे फांटभुयेर पणजे कला अकादमीत 10.30 वराचेर शासकीय कार्यावळ आयोजीत केला. हया वेळार उरीलया काय सुटके झुजाऱ्याच्या भुरग्यांक सरकारी नोकरेत नेमणुक करपाची पत्रा दीवप,बरे काम करपी 5 म्हामंडळाचे भौमान करप,गोंयाक फामाद करपी 10 वेवसायीक उद्देजक आनी brand houseचो भौमान करप,गोयच्या देवळाची म्हायती दीवपी coffee table book launch,मुखेलमंत्री सावंत हांच्या 6 वर्साच्या कार्यकाळात केल्ल्या कामाचो नियाळ दीवपी reforms book launch करप तशेंच गोंय 100 % साक्षर राज्य म्हण घोशणा सरकार करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. BYTE

रश्मि 65

एकुच घर मात विभक्त कुटुंबा रावपी आसत जाल्यार तांका आता वेगळो वेगळो घर नंबर दीवपा वीशी पंचायत संचालनालयान परीपत्रक काडला .सोमारच्यान ही सोय सगळ्या पंचायतीनी आणि उपरांत कांय दीसानी नगरपालीका वाठारातल्या नागरीकांक लेगीत ही सुवीधा उपलब्ध जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत पर्वरे सचीवालयात

घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दिली तशेंच98% पंचायतीनी घर दुरूस्ती करपाक 3 दीसा भीतर परवाने दील्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीली BYTE

गणेश 120

राजभास संचालनालयान तीन वर्सांच्या भाशा पुरस्कारांची घोशणा केल्या. मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं 30 मेक घटक राज्य दिसाचे कार्यावळींत पुरस्कार भेटयतले. रोख 1 लाख रूपया, मानपत्र आनी सन्मानचिन्ह अशे पुरस्काराचे स्वरूप आसा.2022 - 23 वर्साचो रवींद्र केळेकार कोकणी भाशा पुरस्कार माणिकराव नायक गावणेंकार हांकां 2023 - 24 वर्साचो हो पुरस्कार सुरेश रामचंद्र पै हांकां जाल्यार 2024 - 25 वर्साचो पुरस्कार भिकू बोमी नायक हांका जाहीर जाला. 2022 - 23 वर्साचो बा. द. सातोस्कार मराठी भाशा पुरस्कार शंभू भाऊ बांदेकार हांका, 2023 - 24 वर्साचो हो पुरस्कार अनिल सामंत हांका जाल्यार 2024 - 25 वर्साचो हो पुरस्कार रमेश वंसकार हांका फाव  जाला. सरकारान नियुक्त केल्ल्या पांच तज्ज्ञ वांगड्यांच्या समितीन नामांकनांतल्यान कोंकणी, मराठी भाशेची जतनाय आनी उदरगती खातीर वावर केल्ल्या मानेस्तांची पुरस्कारा खातीर निवड केल्या.

राजेश 110

दिवचल म्हलातल्या मये ग्रामपंचायतिचे नवे सरपंच म्हण कनीवी कवठणकर हांची निवड झाली. पूण निवड झाल्या उपरांत फकत दोन वरां भितर नवनिर्वाचित सरपंच कनीवि कवठणकर यांच्या आड भाजप पुरस्कृत सात पंचवंगड्यांनी अविश्वास थाराव दाखल केलो. कनीवी कवठणकर हांचो एकमेव अर्ज आयिल्यान तांची सरपंच म्हणून निवड झाली. पण उपरात नाट्यमय घडामोडीत सरपंच कवठणकर हाणी आमदार तशेच पक्षाचो आदेश मानुक ना अशे सांगून भाजप पुरस्कृत मये ग्रामपंचायतीच्या सात पंचवांगड्यांनी तांचे आड अविश्वास थाराव केलो.

हवामान 70

गोंयांतल्या चडशा सुवातींनी वराक 30-40 ते 50 किमी.वेगान वारे व्हावु येता.  अरबी दर्यांवेले ढग गोंय लागीं पावता आनी आग्नेय दिकेन वता तसो पावसाचो सगल्या तालुक्यांचेर परिणाम जावपाची शक्यताय आसा अशे हवामान खात्यान म्हणला.